# <u>बेकायदेशीर  जमाव करपाक बंदी</u>

ता. 11 फेब्रुवारी  2022

उत्तर गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान उत्तर गोंयांतल्या सगळ्या विधानसभा मतदारसंघानी ता. 12 फेब्रुवारी  2022  दिसा सांजेची 6.00 ते ता. 14 फेब्रुवारी  2022  दिसा सांजेची 6.00  वरांमेरेन पाच वा चड लोक (वेंचणूक लडोवपी उमेदवार आनी कार्यकर्त्यांसयत) एकटाय जमपाक, कसलीय मिरवणूक वा रॅली काडपाक, घराघरांनी भेट दिवपाक वा कोनसो बसका घेवपाक आनी कायदो आनी सुवेवस्थेची समस्या निर्माण करपाक बंदी लागू केल्या.

तशेंच पयशें वा भेटवस्तूं वा सोरो वाटप टाळपाखातीर निर्वाचन अधिकारी, डीईओ आनी सीईओ न मतदान दिसा खातीर परवानगी दिल्ली वाहनां सोडून  निर्वाचन अधिकाऱ्यान वेंचणूक लडोवपी उमेदवारांक प्रचाराखातीर वापरपाक परवानगी दिल्ली सगळीं वाहनां रस्त्याचेर चलोवपाक मनाय केल्या.

तशेंच पयशें वा भेटवस्तूं वा सोरो वाटप टाळपाखातीर सगळ्या खाजगी वाहनांचीय तपासणी करपात येतली.

पुण हो आदेश वेंचणूक अधिकारी आनी सरकारी कर्मचाऱ्यांखातीर लागू आसचो ना.

तशेंच कामावयले लोकसेवक आनी मान्यताय आशिल्ले लग्न सुवाळे वा अंतयात्रा वा धार्मिक सुवाळे वा अशां खंयच्याय कार्यक्रमाक हो निर्बंध लागू आसचो ना, पुण त्या खातीर जिल्हाधिकारी, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी वा उपजिल्हाधिकाऱ्याकडल्यान पुर्व परवानगी घेवपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/108

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji